Panaji Regional 12th September 2025 7.25am

डेस्क 120

मुखेल्मंत्री प्रमोद सावंत हाणी काल आकाशवाणी पणजी केन्द्राक भेट दिली. सरकारान सुरू केल्ल्यो म्हाल आणि सेवा कर सुधारणा २२ सप्टेंबर सावन गिरायकांच्या दिसपट्यां वापराच्या वेगवेगळ्या वस्तूं वेलो कर दर कमी करपाक सज्ज आसात. हेच विशी गोय आणि गोयकारांक जावपी फायदो आणि अधिक माहिती जाणून घेवपाक आकाशवाणीच्या खबरा विभागा वतीन मुखेल्मंत्री प्रमोद सावंत हांची मुलाखत घेतली. सुधारित GST चो फायदो सर्व सामान्य मनशांक नक्कीच 100 टक्के जातलो.लक्झरी वस्तू पासून चारचाकी ते दुचाकी, साधे हॉटेल ते समान्य पाव घेवपाक लेगीत जातलो अशे मुखेलमंत्र्यांनी सांगले.

Byte GST

ही मुलाखत तुमका शेनवार आणि आयतारा आकाशवाणी पणजी केंद्राचेर आयकुपाक मेळटली.

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी भारताची अर्थ वेवस्था पयल्या पाचात पावयली. मेक इन इंडिया, स्वदेशी, वोकल फोर लोकल अशा तरेच्यो येवजनयो राबोवन प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी देशात सुधारण घडयल्यो अशे मुखेलमंत्र्यांनी म्हळें.

byte GDP

गणेश 100

राज्य सरकारान अकुशल मनरेगा कामगारांची दिसाची मजुरी २२ रुपयांनी वाडोवपाचो निर्णय घेतला. ह्यान पयलीं गोंयांत मनरेगा कामगारांक दिसाक ३५६ रुपया मंजुरी मेळटाली. हातूंत २२ रुपयांची वाड करून ती दिसाक ३७८ रुपया केल्या. हे विशीं गांवगिऱ्या विकास खात्याचे प्रकल्प संचालक प्रेमराज शिरोडकार हांणी अधिसुचवणी जारी केल्या.
केंद्रीय ग्रामीण विकास खात्यान मार्च २०२५ वर्सा देशांतल्या विवीध राज्यां खातीर मनरेगा येवजणे खाला मजुरीचें नवें दर अधिसुचीत केल्लें. हे प्रमाण अर्थीक वर्स २०२५-२६ खातीर गोंयांत अकुशल मनरेगा कामगारांक दिसाची मजुरी वाडोवन ३७८

रुपया करपाचो निर्णय जाल्लो. हे प्रमाणूच गोंयच्या ग्रामीण विकास खात्यान मजुरीचें नवें दर १ एप्रिल २०२५ सावन लागू करपाचो निर्णय घेतला.

-----------------------------

Ganesh –90

येत्या १९ डिसेंबर मेरेन राज्यांतले उरिल्ले रान हक्क दावे निकालांत काडपा खातीर विवीध पांवड्यार बसकांचें सत्र सुरू आसा. बिरेस्तारा एकाच दिसा उत्तर गोंयांत ४५ जाल्यार, गोंयांत १०४ मेळून १४९ वन हक्क दाव्यांक मान्यताय दिली. उत्तर गोंयांत झर्मे - सत्तरीच्या ३८ अर्जांक मान्यताय दिली. उत्तर गोंयचे जिल्लोधिकारी अंकीत यादव आनी दक्षीण गोंयची जिल्लोधिकारी एग्ना क्लेटस हांचे कडल्यान ही म्हायती मेळ्ळी. रान हक्क दावे निकालांत काडपा खातीर जिल्लो समितीच्यो नेमान बसका जातात. येत्या १९ डिसेंबर मेरेन आडकून उरिल्ले रान हक्क दावे निकालात काडपाचें उद्दीश्ठ आसा, अशें उत्तर गोंयची जिल्लोधिकारी अंकीत यादव हांणी सांगलें.

Weather – 20

गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 31 degrees celcius आनी उण्यात उणे तापमान 24 degrees celcius इतले आसतले.

Ganesh – 40

गों ंय क्रिकेट सं ंघटणेच्या अध्यक्षपदा खातीर महेश देसाय आनी महेश कां ंदोळकार हांचे मदीं लडत जातली. अध्यक्षपदा खातीर हेर उमेदवारां ंनी अर्ज फाटीं घेतिल्ल्यान आतां दोगूच उमेदवार मैदानांत आसात. गों ंय क्रिकेट सं ंघटणेची वेंचणूक १६ सप्टें ंबराक जातली. हातूंत सगल्या क्लबांचे १०७ प्रतिनिधी वाटो घेतले.

Gasper Dias TT – 30

कल्ब टेनीस द गास्पार डायस, गोंय टेबल टेनीस असोसियेशन च्या जोड पालवान अखील गोंय मुखेल मानांकन टेबल टेनिस सर्त १७ तें २१ स्प्टेंबर मजगतीं घडोवन हाडतली. ही सर्त मिरामार क्लबाच्या संकुलांत जातली.